*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>हॉटेल/घरमालकांनी आपली गिरायकां, भाडेकारांची म्हायती नोंद करून घेवपाचो आदेश</u>**

ता. 12 ऑक्टोबर 2019

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशावरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापन, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय.

तशेंच भाडेकारांची म्हायती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची. हो आदेश 11 ऑक्टोबर 2019 सावन लागू जाला आनी मदी फाटी घेतलो ना जाल्यार 9 डिसेंबर 2019 मेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाक पाळो न दिवप्यांचेर भारतीय दंड संहितेच्या कलम 188 खाला कारवाय जातली, अशें आदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 693

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA